**शेतकारांनी शेती खात्याच्या येवजणांचो लाव घेवचो- श्री. कवळेकर**

ता. 24 सप्टेंबर 2020

शेतकी खात्याच्या येवजणेखाला ह्या वर्सा राज्यातल्या शेतकारांक आनी बागायतदारांक वेगळ्या वेगळ्या जातीच्या फळझाडांचे सुमार 80,000 रोपे /कलमां वटपात येतली आनी आता मेरेन चडांत चड रोपां/कलमांचे वाटप जाल्ले आसा. प्रत्येक तालुक्यात 2000 रोपां/कलमांचे वाटप करपात येता, अशें उपमुख्यमंत्री आनी शेतकी मंत्री श्री. चंद्रकांत ( बाबू ) कवळेकर हांणी सांगले.

उपमुख्यमंत्री केपे मतदारसंघातल्या बाळ्ळी आनी अवेडे वाठारांतल्या शेतकारांक फळझाडांची रोपां आनी कलमां वाटपाच्या कार्यक्रमात उलयताले.

शेतकारांनी शेतकी खात्याच्या वेगवेगळ्या येवजणांचो आनी अनुदानाचो लाव घेवन आपलो शेती वेवसाय वाडोवपाचो उलो शेतकीमंत्र्यान ह्या वेळार मारलो. शेतकी खात्यावतीन खोलाची मिरसांग आनी बार्सेच्या गोडा उत्पादनाचेर अभ्यास चालू आसून शेतकारांच्या समस्यां सोडोवपा खातीर खात्याचे प्रयत्न चालू आसात, अशेंय तांणी सांगले.

फातर्पा पंचायत वाठारांतल्या रस्त्यांच्या रूद्दीकरणाखातीर 5.50 कोटी रूपया खर्च करपात येतले. तशेंच पंचायत इमारत आनी मैदानाचेय काम रोखडेच सूरू जातले अशेंय तांणी सांगले.

विभागीय शेतकी अधिकारी श्री. संदेश राऊत देसाय हांणी शेतकी खात्याच्या येवजणांची म्हायती दिली.

ह्या वेळार फातर्पाच्यो सरपंच श्रीमती मंदा नाईक देसाय, उपसरपंच बाप्तिस फर्नांडिस आनी हेर पंच वांगडी हजर आशिल्ले.

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA